7TH April 2026

7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

सुशांत

फोंडें विधानसभा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणुके खातीर, दक्षीण गोंयच्या जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी विवीध निर्बंधां विशीं आदेश जारी केला. ९ एप्रिलाक जावपी मतदानाचे फाटभूंयेर ७ एप्रिलाक सांजेवेळार, ६ वरां पसून मतदारसंघांत, फुडलीं ४८ वरां रॅली, सभा घेवपा वांगडा सोरो विकपाचेर बंदी आसतली. वेंचणूक प्रक्रिया निश्पक्ष आनी शांतिकायेन जावपा खातीर, जिल्लो प्रशासन तयार आसा. ७ एप्रिलाक सांजे ६ वरांच्यान ते ९ एप्रिलाक मतदान सोंपसर, सगली सोरो विकपाचीं दुकानां, बार आनी रेस्टॉरंटां बंद आसतलीं. मतमेजणी दिसा म्हळ्यार ४ मेकूय 'ड्राय डे' पाळटले. मतदान केंद्रांच्या १०० मीटर वाठारांत, पांच वा ताचे परस चड जाणांनी एकठांय येवपाक बंदी आसतली. फकत मतदाना खातीर रांकेंत उबें रावपी मतदारांकूच, ह्या वाठारांत परवानगी दितले. रोख रक्कम, भेटवस्तू वा सोरो वाटप आडावपा खातीर, पुलीस दळा वतीन वाहनांची खर तपासणी करतले. दक्षीण गोंय पुलीस अधीक्षक आनी फोंडें उपविभागीय पुलीस अधिकाऱ्यांक, ह्या आदेशाची खर अंमलबजावणी करपाचे निर्देश दिल्यात. नेम मोडप्यांचेर कायदेशीर कारवाय करतले. मतदान प्रक्रिया शांतीकायेन जावचे खातीर सगले उमेदवार, राजकीय पक्ष आनी नागरिकांनी वेंचणूक आयोगाचे नेम पाळचे, असो उलो जिल्लोधिकाऱ्यांनी मारलो.

जाण

सेंसस प्रशिक्षणाचो दुसरो पांवडो काल सावन सुरु जालो. दक्षीण आनी कुशावती जिल्ह्यांखातीर, पर्यवेक्षकांचे ३ दिसांचे प्रशिक्षण फोंडा, मडगांव आनी केपे अशा तीन सुवातांनी चालू जाले. हे प्रशिक्षित प्रगणक आनी पर्यवेक्षक १६ एप्रिल सावन, घरांघरांनी वचून म्हायती घेतले. सेंसस २०२७ दोन पांवड्यांनी जातले. पयल्या पांवड्यार घरांची नोंदणी आनी घरांत रावपी मनशांचो आंकडो, एकठांय करतले. दुसरो पांवडो फेब्रुवारी २०२७ सावन सुरु जातलो आनी १५ दिसांभितर सोंपतलो. लोकांनी आता १५ एप्रिल मेरेन

se.census.gov.in ह्या पोर्टलाचेर वचून, स्वतःची माहिती भरुं येता. चडान चड लोकांनी ही म्हायती भरची, अशें आवाहन जनगणना खात्यान केलां.

## फोंडा पोटवेंचणुक

फोंडाचे पोटवेंचणुकेंत भाजपान प्रचारांत फुडाकार घेतला आनी सगळ्या पांवड्यार प्रचाराचेर भर दिला. फाटल्या सप्तका सावन मुखेलमंत्री, प्रदेशाध्यक्ष, मंत्रीमंडळांतले चडशे मंत्री, आमदार आनी हेर फुडारी, कोपरा बसका आनी भोशिक बसका घेतात. दुसरे वटेन काँग्रेस पक्षाचे प्रभारी, आनी राज्यांतल्या फुडायऱ्यांनी प्रचारावेळार बसका घेवपा परस, मतदारांक मेळपाचेर चड लक्ष केंद्रीत केलां. 9 एप्रीलाक जावपी हे वेंचणुकेंत भाजपांचे रितेश रवी नायक, काँग्रेसीचे डॉ. केतन भाटकार आनी आपचे गीतेश नाईक, उमेदवार म्हणून वेंचणूक रिंगणात आसात.

दर दिसा उणेच, दोन भाजपाचे मंत्री प्रचारांत वांटो घेतात. युवा मोर्चा सयत बायलां कार्यकर्ते, वेगवेगळ्या पांवड्यार प्रचारांत वांटो घेतात. वेगवेगळ्या गटांचीं मतां मेळोवपा खातीर मुखेलमंत्री आनी हेर फुडाऱ्यांच्यो बसकाय पुरायपणान सुरू आसात. आम आदमी पक्षा कडल्यान दारां दारांतल्यान प्रचार सुरु आसा. केंद्रीय फुडारी अरविंद केजरीवाल हांचीं भौशीक बसका सोडल्यार आप उमेदवार गितेश नायक हांणी कोनशा बसकांचेर, थोड्या प्रमाणात भर दिल्या. दारांतल्यान दारांत वचून मतदारांक मेळपाचेर तांणी चड लक्ष केंद्रीत केलां. राज्य अध्यक्ष वाल्मीकी नायक आनी संदेश तालेकार देसाय हांचे वांगडा, पक्षाचे कार्यकर्ते काम करताना दीष्टी पडतात.

## अस्तंत आशियांतल्या संघर्श

अस्तंत आशियांतल्या संघर्श परिस्थितीत लेगीत, देशांत अन्नधान्यांचो फावो तो सांठो आसा, अशें सरकारान सांगले. नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलोवप करतना गिरायक वेव्हार खात्याचे अतिरिक्त सचीव अनुपम मिश्रा हांणी सांगलें, कि  गरजेच्या वस्तूंचे मोल स्थिर आसा. देशांत दाळींचें उत्पादन, फाटल्या वर्सा परस चड आसा तशेच वस्तूंचे दर आनी पुरवण हांचेर सरकार बारीकसाणेन नदर दवरता. अन्न आनी भौशीक वितरण खात्याचे संयुक्त सचीव सी. शिखा हांणी सांगलें की देशांत गंव आनी तांदूळ दोनूय

प्रकारांचो फावो तो 'बफर स्टॉक' आसा. देशांत सुमार 602 लाख मेट्रीक टन अन्नधान्य उपलब्ध आसा, अशी म्हायती तांणी दिली.

## नुस्तें उत्पादन

फाटल्या धा वर्सांत देशांतलें नुस्तें उत्पादन दुपेटीन वाडलां,ताका लागून भारताक दर्यां उत्पादनां मळार संवसारांत दुसरी सुवात मेळ्ळा. सरकाराच्या म्हणण्या प्रमाण 2014-15 वर्सा सावन चालीक लायिल्ल्या नुस्तेमारी संबंदीत येवजण्यांनी, 74 लाखां वयर प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार संदी निर्माण जाल्यात. संवसारीक नुस्त्याच्या उत्पादनांत भारताचो वाटो सुमार आठ टक्के आसा. केंद्रीय अर्थसंकल्पत हे खातीर वर्सुकी 2 हजार 761 कोटी रुपयां मंजूर केल्या, जाका लागून देशांतल्या नुस्त्याच्या उत्पादनाक चालना मेळटली, असो अदमास आसा.

## खेळ

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज, राजस्थान रॉयल्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदि गुवाहाटीच्या बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमांत, सांजे 7:30 वरांचेर खेळ जातलो. सध्या राजस्थान रॉयल्साचो गूण तक्त्याचेर तिसरो क्रमांक आसा, जाल्यार मुंबय इंडियन्स सव्या क्रमांकाचेर आसा. रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू दुसरे सुवातेर आसा. मजगतीं, कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स हांचे मदली मॅच काल रातीं, कोलकाता हांगाच्या ईडन गार्डनांत पावस पडपाक लागिल्ल्यान, रद्द जाली.

## वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.3 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 23 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार